**मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं कुंडय हांगा जैव-वैजकी कोयर प्रक्रिया प्रकल्पाचें उक्तावण**

ता. 13 मे 2022

राज्यांत तयार जावपी बांदकाम आनी उद्देगीक क्षेत्रांतल्या कोयराचेर प्रक्रिया करपाखातीर वेगळें कोयर प्रक्रिया प्रकल्प उबारून राज्यांतली कोयराची समस्या सोडोवपाखातीर सरकार गंभीरपणान काम करता, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज कुंडय उद्देगीक वसणूकेत सामान्य जैव-वैजकी कोयर प्रक्रिया सुविधेचें उक्तावण केले उपरांत उलयतना सांगलें.

ह्या सामान्य जैव-वैजकी कोयर प्रक्रिया सुविधेक लागून राज्यांतल्या वैजकी आनी भलायकी सेवा मळार तयार जावपी जैव-वैजकी कोयराचेर योग्य तरेन प्रक्रिया जातली आनी जैव-वैजकी कोयराचो व्हिलो लावपाची समस्या सुटावी जातली, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

सामान्य जैव-वैजकी कोयर प्रक्रिया प्रकल्प अकरा म्हयन्याच्या विक्रमी वेळेत पुर्ण केल्ले खातीर मुख्यमंत्र्यान गोंय कोयर वेवस्थापन म्हामंडळाच्या वावराची तोखणाय केली. बांदकाम आनी उद्देगीक क्षेत्रांतल्या कोयराचेर प्रक्रिया करपाखातीर कुडचीरे आनी पिसुर्ले हांगा सुविधा उपलब्ध करपात येतली, अशेंय मुख्यमंत्र्यान ह्या वेळार सांगलें.

विज्ञान आनी तंत्रज्ञान, कोयर वेवस्थापन मंत्री श्री. आंतानासियो मोन्सेंरात हांणी सामान्य जैव-वैजकी कोयर प्रक्रिया प्रकल्प विक्रमी वेळेत पुर्ण केल्ले खातीर समाधान उक्तायले आनी वैजकी आनी भलायकी सेवा मळावयल्या वेवसायिकांक ह्या सुविधेचो फायदो घेवपाचो उलो मारलो.

सामान्य जैव-वैजकी कोयर प्रक्रिया सुविधा भौशीक-खाजगी सहभागान उबारिल्ली आसून त्या खातीर गोंय कोयर वेवस्थापन म्हामंडळान मे. बोयोटॅक वेस्ट सोल्युशन प्रा. ली. कंपनीक धा हजार चौ. मी. जमीन दिल्या.

गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळाचे अध्यक्ष श्री. महेश पाटील हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले. गोंय कोयर वेवस्थापन म्हामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक डॉ. लेव्हिन्सन जे मार्टिन आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/348

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji